भारताची अर्थवेवस्था घटमूट आशिल्ल्यान भारत संवसाराक आशेचो दिवो थरला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. भारत संवसाराक आशेचो दिवो म्हणून भारत ठरता तेन्ना विकसीत भारताची नदर साकार करपा खातीर नेटान अर्थीक उदरगत करप हे म्हत्यात्वे ठरता अशें तांणी मुखार म्हणला अर्थीक वाड तीग्वोन दवरप आनी घटमूट करपा विशीं अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत ताणी व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी मार्गदर्शन केले . आयज संवसार विस्वासांत घेवपा सारके आनी लवचीक अशे उत्पादन भागीदार सोदता. हे दिकेन भारताक म्हताची पावला उखलीत बरो वावर करपाची संद आसा अशें

संशोधन आनी विकासांत गुंतवणूक वाडोवपाक आनी गुणवत्तेचेर लक्ष केंद्रीत करपाक उद्देगांक प्रधानमंत्री मोदी हांणी उलो मारला. जमनीचेर बदल घडोवन हाडपा खातीर उद्देग, अर्थीक संस्था आनी राज्य सरकारांनी एकठांय येवन तो साकार करचो पडटलोअशे .प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, संवसारीक अर्थवेवस्थेंत आयज व्हडलें रुपांतर घडटा. आतां बाजारपेठ फकत खर्चाचेर न्हय, तर टिकावूपणाचेरूय लक्ष केंद्रीत केलां अशें तांणी सांगलें..

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी इझ्राएलान इराणाचेर केल्ल्या हल्ल्याक तेंको दिवपी टिपणी केल्या असो दावो केल्या सोशल मिडियाचेर पातळिल्ल व्हिडियो सरकारान न्हयकारला. प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या फॅक्ट चेक युनिटान हो दावो फटीचो आनी बनावट आसा अशी म्हायती दिल्या. संरक्षण मंत्र्यान अशें विधान करूंकच ना अशेंय युनिटान म्हणला. अशा हाताळणी केल्ल्या व्हिडियो विशीं नागरिकांनी जतनाय घेवपाकुय सरकारान उलो मारला .

तेहरान शारांत धोक्याची धारणा वाडिल्ल्यान इराणांतल्या भारतीय दूतावासान तेहरानांतल्या चडशा भारतीय विद्यार्थ्यांक शारा भायल्या सुरक्षीत सुवातेर व्हरून दवरल्यात. तांणी दिल्ल्या निवेदनांत दूतावासान तांची येरादारी, जेवण आनी रावपाची वेवस्था केल्या अशें सांगलां. इराणांत रावपी हेर भारतीय विद्यार्थी आनी भारतीय नागरिकांक आपूण आसा थंय रावप, शक्य तितले घरांत रावप आनी जनेलां पासून पयस रावपाचें आवाहन दूतावासान केलां. गरजेच्यो सगळयो जतनाय घेवपाक आनी निदर्शनां वा निदर्शनां जावपी सुवाती टाळपाक तांकां आवाहन केला.तेहरान शारांत धोक्याची धारणा वाडिल्ल्यान इराणांतल्या भारतीय दूतावासान तेहरानांतल्या चडशा भारतीय विद्यार्थ्यांक शारा भायल्या सुरक्षीत सुवातेर व्हरून दवरल्यात. तशेंच सगल्या वेळार योग्य जतनाय घेवची आनी निदर्शनां वा निशेध जावपी सुवाती टाळपाक सांगलां.

भारत रानवटी जनावरांच्या संवर्धनांच्या मळार संवसारीक फुडारी म्हूण व्हड अभिमान साम्बळटा अशे उप राष्ट्रपती  सी.पी राधाकृष्णन हांणी आयज संवसारीक रानवटी जिवांच्या दिसा निमतान स्पष्ट केले . हे निमतान ताणी सगळयाक पर्बी भेतायल्यात . संवसारांतले सगळयांत व्हडले रानटी वाग आनी एक शिंगे आशिल्ले गेंडे, तशेच आशियाई हत्तींचो आकडो चड आसा आशियाई शींवाच्या राबित्याची भारत हि एकमेव सैमीक सुवात  आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें.

भारताची गिरेस्त जैवविविधताय सांबाळपा खातीरच न्हय तर मुखेल जाती आनी पर्यावरण यंत्रणेची पुनररचणूक  करपा खातीर आपल्या  वचनबद्धतायची  पुष्टी करपाचो उलो ताणी दरेका नागरिकान मारला. तशेंच फुडल्या पिळग्यां खातीर देशाच्या सैमीक दायजाची राखण करपा खातीर वावुरपी संवर्धनवादींच्या अथक यत्नांची ताणी तोखणाय केली.मजगती संवसारीक रानवटी जिवांचो दीस हो धर्तरेच्या अविश्वसनीय जैवविविधतायेची परब आसा अशें केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी सांगलें. रानवटी जनावरांचें संवर्धन फकत पर्यावरणीय समतोला खातीर म्हत्वाचें न्हय तर ही एक वांटून घेतिल्ली जापसालदारकी आसा जी सैमीक दायजाची राखण करपा खातीर समाजात  सतत यत्न करतातअशे  सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी म्हणला

भारतीय युनिक आयडेंटिफिकेशन ॲथॉरिटी (यूआयडीएआय) हांणी भारतांतल्या 1 लाख 3 हजारां वयर शाळांनी काम केलां. ह्या उपक्रमाक लागून सुमार 1.2 कोटी शाळा विद्यार्थ्यांक तांच्या शाळा परिसरांत आधाराचें सक्तीचें बायोमेट्रीक अपडेट (एमबीयू) पुराय करपाक मजत जाल्या अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयान सांगलां. ह्या चालू उपक्रमाक उण्यांत उणी चार हजार मशीनांचो वापर जाता, जाका लागून यूआयडीएआय हो आंकडो आनीक वाडोवपाचे प्रक्रियेंत आसा हें स्पश्ट जाता.

भारत हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयाचेर वीज पडपा वांगडा गडगडपाचो अदमास काडला. तशेंच फुडल्या चार दिसांत देशाच्या वायव्य वाठारांत चडांत चड तापमान ल्हव ल्हव 2 ते 3 अंश सेल्सियस वाडटलें असो अदमास उक्तायला . मजगतीं फुडल्या 2 ते 3 दिसांत कोंकण, गोंय, आनी गुजरात हांचेर उश्ण आनी दमट परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.